4th February 2026 8.40am

- भारतान अमेरिके कडेन फायदेशीर वेपार वेपार कबलात केल्या, अशें सरकारान सांगलें.
- सभाघरांतल्या बेशिस्त वागणुके खातीर लोकसभेतल्या आठ विरोधी खासदारांक अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाच्या उरिल्ल्या काळा खातीर काल निलंबीत केल्यात.
- भारतीय रिझर्व्ह बँकेची (RBI)ची आयच्यान शुक्रारा मेरेन चलन धोरण समिती (MPC) ची बसका जातली.
- बायलां प्रिमियर लीग (डब्ल्यूपीएल) क्रिकेट सर्तींत काल रातीं जाल्ल्या एलिमिनेटर मॅचीत दिल्ली कॅपिटल्सान गुजरात जायंटसॅक सात विकेटींनी हारोवन फायनलींत पावल घाला.

Goyal – 100

भारतान अमेरिके कडेन अनुकूल वेपार कबलात केल्या, अशें सरकारान सांगला. नवी दिल्लींत काल सांजवेळा पत्रकार परिशदेंत उलयतना वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी नवी दिल्ली आनी वॉशिंग्टन हांचे मदल्या वेपार कबलातीक इतिहासीक आनी दूरदर्शी अशें म्हणलें. हे वेपार कबलातीक लागून संवसारीक अर्थवेवस्थेंत भारताची सुवात घटमूट जातली अशें तांणी सांगलें. ह्या कबलातीक लागून भारतांतल्या गांवगिऱ्या आनी शारांतल्या शेतकारांक, नुस्तेकारांक, सूक्ष्म, लघु आणि मध्यम उद्योग (MSMEs), महिला उद्योजक आनी तरणाट्यां खातीर नव्यो संधी उपलब्ध जातल्यो.

या करारा विशीं लोकांची दिशाभूल केल्या खातीर आणि confusion निर्माण केल्या खातीर तांणी लोकसभेंतले विरोधी पक्ष फुडारी राहुल गांधी आनी हेर विरोधी फुडाऱ्यांचेरूय टीका केली.

Rijiju – 60

संसद भवन संकुलात काल जाल्ल्या एनडीए संसदीय पक्षाचे बसकेंत एनडीए खासदारांनी इतिहासीक भारत-अमेरिका पार कबलाती खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी

हांचो भोवमान केलो. अमेरिके बरोबर जाल्ली ही वेपार कबलात इतिहासीक आसा अशें बसके उपरांत पत्रकारां कडेन उलयतना संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू हांणी सांगलें. प्रधानमंत्री मोदी हांच्या फुडारपणा खाला सगले विकसीत देश भारता वांगडा समन्वयान काम करपाक सोदतात अशें तांणी सांगलें.

BJP Manipur - 60
भाजप फुडारी युमनम खेमचंद सिंग काल मणिपूरांतल्या भाजपा विधिमंडळ पक्षाचे फुडारी म्हूण एकमतान वेंचून आयल्यात. काल नवी दिल्लींत पक्षाच्या मुख्यालयात जाल्ल्या विधीमंडळ पक्षाचे बसकेंत तांची निवड जाली. पक्षाचे सरचिटणीस आनी मणिपूरांतल्या विधीमंडळ पक्षाच्या फुडाऱ्याचे वेंचणुके खातीर नियुक्त केल्ले केंद्रीय निरिक्षक तरुण चुघ हांणी सोशल मिडिया पोस्टा वरवीं ह्या वेंचणुकेची म्हायती दिल्या. चुघ हांणी सिंग हांका यशस्वी आनी प्रभावी कार्यकाळा खातीर शुभेच्छा दिल्या.

Birla – 60
लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला काल संसद भवनातल्या तांच्या कार्यालयांत तेलुगू देशम पार्टी आनी युवाजाना श्रमिका ऋथू काँग्रेस पक्षाच्या (YSRCP) खासदारांक मेळ्ळे. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत बिर्ला हाणी सांगलें की वांगड्यां कडेन संपर्क सादून तांचे प्रस्न समजून घेवप, खासदारांखातीर सुविधांच्या विस्तारा विशीं चर्चा करप आनी लोकशाय प्रक्रियेंत दरेका वांगड्याचो वांटो वाडोवपाचे मार्ग सोदून काडप हे सदांच समृध्द करपी आनी उर्बा दिवपी आसता.

PM pariksha – 80
प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी नागरिकांक शुक्रारा 'परीक्षा पे चर्चा' कार्यावळीचो खाशेलो भाग पळोवपाक आमंत्रित केल्यात. भारताच्या तरणाट्यां कडेन संवाद सादप हो एक उत्साहवर्धक अणभव अशें सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. ताण मुक्त परिक्षेच्या म्हत्वाचेर तांणी भर दिलो आनी आव्हानां पयस करप, समतोल दवरप आनी आत्मविस्वास वाडोवप हांचे विशीं वेव्हारीक मार्गदर्शन केले. देवमोगरा, कोईम्बतूर, रायपूर, गुवाहाटी आनी दिल्लींत 7 लोक कल्याण मार्ग हांगाExamWarriors बरोबर संवादात्मक सत्रा जाली अशी म्हायती मोदी हांणी दिली.

Sinha – 80

नागरी विमान येरादारी मंत्रालयान 2026-27 वर्साच्या केंद्रीय अदमासपत्रकाक येवकार दिला आणि हे अदमासपत्रक देशाच्या विमान येरादारी क्षेत्राक आत्मनिर्भर करपाक मदत करपी आशिल्ल्याचे सांगला. विमान आणि भारतीय बनावटीच्या घटकांवेली मूलभूत सीमा शुल्क सुट देशांतर्गत विमान निर्मितीक मोठी चालना दितली अशें मंत्रालयान म्हळां. आकाशवाणी न्यूज़ा कडेन उलयतना नागरी विमान येरादारी मंत्रालयाचे सचीव समीर कुमार सिन्हा हांणी सांगलें, देखरेख, दुरुस्ती आनी ओव्हरहाल साधनांच्या भागांचेर कस्टम ड्यूटीची सुट 2028 मेरेन वाडयल्यार भारत हें जागतीक विमान देखरेख केंद्र म्हणून घटमूट जातलें. Byte Sinha – 28

Suspended –50

सभाघरांतल्या बेशिस्त वागणुके खातीर लोकसभेतल्या आठ विरोधी खासदारांक अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाच्या उरिल्ल्या भागा खातीर काल निलंबीत केल्यात. हातूंत काँग्रेसीचे मणिक्कम टागोर, अमरिंदर सिंग राजा, गुरजीत सिंग औजला, हिबी ईडन, डीन कुरियाकोसे, प्रशांत पडोले आणि किरण कुमार रेड्डी, तसेच सीपीआय (एम) चे एस. वेंकटेशन हांचो आस्पाव आसा.

Vaishnaw – 110

केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी काल महाराष्ट्रांतल्या पालघरांत मुंबय-अहमदाबाद हाय स्पीड रेल्वे (MAHSR) प्रकल्पाच्या दुसऱ्या दोंगरी बोगद्यांचे येसस्वी ब्रेकथ्रू जाल्ल्याची घोशणा केली. देशांतल्या महत्वाकांक्षी बुलेट ट्रेन कॉरिडोरांतलो हो एक म्हत्वाचो वाटचिरो. हो बोगदो 454 मीटर लांब आनी 14.4 मीटर रुंद आसा, ह्या बोगद्यातल्यान मुंबई अहमदाबाद हाय स्पीड रेल्वे प्रकल्पाचे अप आणि डाऊन अशे दोनूय मार्ग वतले.

प्रकल्पा खातीर वापरतात ती जायतीं प्रगत बांदकाम तंत्रगिन्यान आनी व्हड मशीनां भारतांत तयार जाल्यात अशें वैष्णवा हाणी अधोरेखित केले. बुलेट ट्रेन प्रकल्पाच्या गुजरात विभागाचे व्यावसायिक कामकाज फुडल्या वर्सा सुरू जावपाची आस्त आशिल्याचे तांणी सांगले. हाय स्पीड रेल्वे सेवा 2028 मेरेन ठाणे मेरेन विस्तारतली आनी 2029 मेरेन पुराय कॉरिडोर मुंबय मेरेन पावतलो अशी आस्त तांणी उक्तायल्या.

RBI MPC - 40

भारतीय रिझर्व्ह बँकेची (RBI)ची आयच्यान शुक्रारा मेरेन  चलन धोरण समिती (MPC) ची बसका जातली.RBIचे गव्हर्नर संजय मल्होत्रा हांच्या फुडारपणा खाला स वांगड्याच्या MPCचो निर्णय शुक्रारा जाहीर जातलो. आरबीआयन फेब्रुवारी 2025 सावन रेपो दर 125 बेसिस पॉयंट उणो करून 5.25 टक्क्यांचेर हाडला.

RBI – 95

रिझर्व्ह बँकेन सगळ्या बँकांक सरकारी कामां कडेन संबंदीत आशिल्ले तांचे सगळे फांटे 31 मार्च 2026 दिसा भौसा खातीर उक्ते दवरपाचे निर्देश दिल्यात, जाका लागून 2025-26 वित्तीय वर्साच्या पावती आनी फारीकणी संबंदीत सगळ्या सरकारी वेव्हारांचें हिशोब करपाक मेळटलो. केंद्र सरकाराच्या विनंतीचेर काल सांजवेळार हे निर्देश जारी केल्यात. 2025-26 वित्तीय वर्साचो निमाणो दीस म्हळ्यार 31 मार्च ह्या दिसा महावीर जयंती निमतान भौशीक सुटी.देखून चालू अर्थीक वर्साच सगल्या सरकारी वेव्हाराचो हिशोब जावचो हे खातीर सरकारी वेव्हार हाताळपी बँकांक आपले फांटे उक्ते दवरपाचे निर्देश दिल्यात. तसेच ह्या दिसा उपलब्ध आशिल्ल्या बँकिंग सेवांची फावो ती प्रसिद्धी करपाचे निर्देश बँकांक दिल्यात.

IMD – 60

भारतीय हवामान खात्यानं (IMD) आज बिहार, हरियाणा, चंदीगड, दिल्ली, हिमाचल प्रदेश, मध्य प्रदेश आणि पंजाबच्या काय वाठारांनी दाट धुकें पडटलें असो अदमास उक्तायला. उपहिमालयन अस्तंत बंगाल, सिक्किम, उत्तर प्रदेश आनी उत्तराखंडांतल्या कांय वाठारांनीय अशीच हवामानाची स्थिती आसपाची शक्यताय आसा. तशेंच फुडल्या 48 वरांत महाराष्ट्रांत उण्यांत उणें तापमानात ल्हव ल्हव दोन ते तीन अंश सेल्सियस वाड जावपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.

ICC – 40

आयसीसीच्या 19 वर्सां सकयल्या वनडे क्रिकेट विश्वचषकांत काल सांजवेळा झिंबाब्वेच्या बुलावायोत जाल्ले पयले उपांत्य फेरयेंत ऑस्ट्रेलियेक 27 धांवड्यांनी हारोवन इंग्लंड फायनलींत पावलां.

दुसरे सेमी फायनल मॅचींत आज हरारेत भारत अफगाणिस्ताना आड खेळटलो. भारतीय पंगड आतां मेरेन ह्या सर्तींत एकूय match हारुना.

WPL – 70

बायलां प्रिमियर लीग (डब्ल्यूपीएल) क्रिकेट सर्तींत काल रातीं वडोदरात बीसीए स्टेडियमाचेर जाल्ल्या एलिमिनेटर मॅचीत दिल्ली कॅपिटल्सान गुजरात जायंटसॅक सात विकेटींनी हारयला. दिल्ली कॅपिटल्सान 15. 4 ओव्हरींनी 3 गडे व्हगडावन 169 धांवड्यो करून 169 धांवड्यांचें लक्ष्य साध्य केलें. दिल्ली खातीर लिझेल लीन 43 धांवड्यो आनी मुखेली जेमिमा रॉड्रिगीसान 42 धांवड्यो केल्यो. रॉड्रिगीसाक player ऑफ the match खिताब फावो जालो.

फाल्यां फायनलीचे मॅचींत दिल्ली कॅपिटल्स रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू आड खेळटले.